# नव भारत निर्माण करपाखातीर तरणाट्यांनी प्राविण्य मेळोवपाची गरज: मुख्यमंत्री

**ता. 20 डिसेंबर 2021**

जेन्ना आमी नवीन भारत घडोवपाचे ध्येय बाळगीतात तेन्ना आमच्या तरणाट्यांनी विंगड विंगड मळार उत्कृश्ट कामगिरी करपाक जाय. प्रत्येक विद्यार्थ्यामदी कुशळटाय गुण आसतात, ते वळखून तांच्या मुखार उद्दीश्ट दवरपाक जाय आनी ते उद्दिश्ट पूर्ण करपाखातीर तांकां प्रेरणा दिवपाक जाय, अशें मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज उच्च शिक्षणात बरी कामगिरी केल्ल्या शिक्षकांक राज्य शिक्षक पुरस्कार भेटोवपा खातीर उच्च शिक्षण संचालनालयान गोंय विद्यापीठ, दोनापावला हांगा आयोजीत केल्ल्या कार्यक्रमात उलयताना सांगलें.

मुख्यमंत्र्यान फुडें म्हणले, शिक्षक न्हय फकत विद्यार्थ्यांचे भविश्य घडयता जाल्यार पुराय पिळगेचें भविश्य घडयता. आमचेकडेन आमचे विद्यापीठ आसाच त्याशिवाय आमी नवीन शिक्षणाखातीर खाजगी विद्यापीठांकय आमंत्रित केल्ले आसा. आमी विद्यापीठांची निवड करतना उत्कृश्ट डिझाइन आनी कुशळ विद्यापीठांची निवड केल्या, अशें तांणी म्हणलें.

भावी पिळग्यांचे भवितव्य घडोवपाक कश्ट घेवपी शिक्षकांचो सत्कार करपाची संद मेळिल्लेखातीर मुख्यमंत्र्यान समाधान उक्तायताना सांगलें, सध्याच्या म्हामारीक लागून फाटल्या दोन वर्सांत शिक्षकांचो सत्कार जावपाक शकलो ना. पुरस्कार फावो जाल्ल्या शिक्षकाविशीं तयार केल्ल्या लघुपटातल्यान तांच्या समर्पित सेवेची तळमळ दिसून येता. तांणी आपल्या संबंदीत क्षेत्रात केल्ल्या उत्कृश्ट सेवेखातीर ते खऱ्यानीच तोखणायेक पात्र आसात.

आपल्या भावी पिळगेचे उज्ज्वल भवितव्य घडोवपा खातीर शिक्षणतज्ज्ञ आनी प्रशासनान एकवटान काम करपाची गरज आशिल्ल्याचे तांणी सांगलें. शिक्षणिक मळार जे कित्ये करतात ते प्रशासनात दिसपाक जाय. संशोधनाच्या मळार काम करपाक सोदपी तरणाट्यांक आदार दिवपाखातीर उच्च शिक्षणाच्या अर्थसंकल्पात तजवीज केल्ली आसा, अशीय म्हायती तांणी दिली.

उच्च शिक्षण संचालनालयान तयार केल्लो दिश्टावो ज्रनल यशस्वी जाल्ले खातीर तांणी उच्च शिक्षण संचालनालयाची तोखणाय करून संचालनालयांन विंगड विंगड संशोधन संस्थांवांगडा केल्ले समजीकाय करार आमच्या फुडल्या पिळगेक फायदेशीर थारतले, अशेंय तांणी सांगलें.

गोंय विधानसभेचे सभापती श्री. राजेश पाटणेकर हांणी शिक्षणाचे म्हत्त्व आनी मूल्य सांगतना शिक्षण हे प्रत्येकाची गिरेस्तकाय आशिल्ल्याचे म्हणलें. जाका महत्त्वाकांक्षा आसा

तो आपल्या जीणेत ताचो खंयच्याय  टप्प्याचेर लाव घेवपाक शकता. शिक्षक विद्यार्थ्यांक शिक्षण दितात आनी समाजाकडल्यान तांक आदर फावता. शिक्षकांच्या प्रयत्नांक लागून गोंयांत साक्षरतायेचे प्रमाण जास्त आसात, अशें सांगून तांणी  सगळया पुरस्कार फावो जाल्ल्या शिक्षकांचे  अभिनंदन केले.

2018-2019 ह्या वर्साखातीर प्रो. बी. आर. श्रीनिवासन, प्रो. व्यंकटेश व्ही. कामत, प्रो. रेखा रमेश गावकर, प्रो. विकास जे. पिसुर्लेकर, प्रो. डॉ. एम. आराधना हांका जाल्यार 2019-2020 ह्या वर्साखातीर प्रो.राजेंद्र सोयरू गाड, प्रो.सविता केरकर, प्रो. विद्या देसाई, प्रो. राधिका नायक, प्रो. राजन मॅथ्यू हांका आनी 2020-2021 वर्साखातीर प्रो.एम.के. जनार्दनन, प्रो.प्रणव मुख्योपाध्याय, प्रो.वृंदा बोरकर, प्रो.प्रवीण भेंडे, प्रो.सुशीला सावंत मेंडस, प्रो.कौस्तुभ प्रियोळकर, प्रो.ज्योती डी.पोवार, प्रो.फकरुद्दीन एम.नदाफ, प्रो.संजय सावंत देसाय, प्रो. , डॉ. डिलेक्ता डी कोस्टा हांकां मुख्यमंत्र्याहस्तुकीं राज्य शिक्षक पुरस्कांर भेटयले.

उच्च शिक्षण सचीव श्री. रवी धवन,  कुलगुरू प्रो. हिरालाल मेनन; कुलसचिव प्रो.विष्णू नाडकर्णी, उच्च शिक्षण संचालक श्री प्रसाद लोलयेकर, रिसर्च स्कॉलर्स, शिक्षणतज्ज्ञ, अभ्यासक आनी विद्यार्थी कार्यक्रमाक उपस्थित आशिल्लें.

प्रा.राधिका नायक हांणी उपकाराचे उलवप  करतना शिक्षक पुरस्काराचो आवाठ उच्च शिक्षणामेरेन  वाडयिल्लेखातीर  सरकाराचे उपकार मानले.

प्रो.ज्योती डी.पोवार हांचेय ह्या वेळार भाशण जालें.

उच्च शिक्षण संचालनालयाचे सहाय्यक संचालक श्री विपुल घारे हांणी निमाणे उपकार  मानले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/1064

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji